25/07/2026 प्रादेशिक खबरो 7.20 pm

<u>मुखेल खबरो</u>

-मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत फाल्या वास्कोत मुळाव्या भलायकी केंद्राचो बुन्यादि फातर बसयतले .

- केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी कडेन आपलो राजिनामो सादर केलो.

- २० ते २८ नोव्हेंबर मज्गत गोंयांत जावपी ५७व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांखातीर अधिकृतपणान प्रवेशिका स्वीकारपाक सुरुवात केल्या

-प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले.

-गोयातल्या साबार वाठारातल्या विठ्ठलांच्या आनी हेर देवळांनी आषाढी एकादशी परब व्हड उमेदिन आनी भक्तिभावान मनयली

<u>मुख्यमंत्री</u>

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत फाल्या सांजे चार वरांचेर मोरमुगांव वास्कोत 20 खाटींच्या मुळाव्या भलायकी केंद्राचो बुन्यादि फातर बसयतले . हो प्रकल्प गोंय राज्य मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळ म्हल्यार जीएसआयडीसी हातांत घेतला. ह्या कार्यावळीक भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, राज्यसभा खासदार श्री. सदानंद शेत तानावडे, जीएसआयडीसीचे अध्यक्ष मायकल लोबो आनी हेर मानेस्त.

हाजीर आसतले . ह्या प्रकल्पाचो खर्च सुमार २६ कोटी इतलो आसा. ह्या भलायकी केंद्रची इमारत चार माळयेची आसतली आनी तातूंत गरजेच्यो सगळयो वैजकी सुविधा उपलब्ध आसतल्यो. प्रस्तावीत भलायकी केंद्रांत सामान्य वैजकी, दंतचिकित्सा, आयुश, ईएनटी नेत्रविज्ञान, आर्थोपेडिक्स, बालरोगविज्ञान आनी स्त्रीरोग आनी प्रसूती शास्त्र ह्या विभागां खातीर बाह्यरुग्ण विभाग (ओपीडी) आसतलो .

<u>धर्मेंद्र प्रधान</u>

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी कडेन आपलो राजिनामो सादर केलो. फाटल्या धा दीस देशभरांतल्या विद्यार्थ्यांनी केल्ल्या निशेधा उपरांत निर्माण जाल्या परिस्थितीची नैतीक जापसालदारकी स्विकारून हो निर्णय आपूण घेतला अशें तांणी सांगलें. विद्यार्थ्यांचें हित सर्वोच्च आसा आनी राष्ट्रविरोधी शक्तींनी हे परिस्थितीचो फायदो

घेवचो न्हय तशेच खंयच्याय विद्यार्थ्याचो फुडार कायदेशीर गुंतागुंतांचो जव्हो न्हय म्हणून आपूण आपलें पद सोडपाचें निर्णय घेतला अशे तानी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगले मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे मार्गदर्शन, विस्वास आनी सतत आदार दिल्ल्या खातीर उपकार मानले. राष्ट्राची सेवा करप हें आपल्या जिवितांतलें सगळयांत उंचेलें ध्येय आनी फुडाराकूय पुराय समर्पणान ताचे खातीर वावुरतले अशें तांणी सांगलें.
मजगती धर्मेंद्र प्रधान हांणी केंद्रीय शिक्षण मंत्री पद सोडपाचो घेतिल्लो निर्णय तांच्या 4 दासकांच्या भोवशीक जिणेंत ताणीं जपिल्ली जापसालदारेची भावना दाखोवन दिता. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणांतलें तांचें योगदान सदांच याद उरतलें, अशे मुखेलमंत्री डाॅ. प्रमोद सावंत हांणी राजीनाम्या उपरान म्हणला.

<u>मन की बात'</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळया मन की बात' कार्यावळीचो हो 121 वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल अॅपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

नॅशनल फिल्म डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन'ने २० ते २८ नोव्हेंबर २०२६ मेरेन गोंयांत जावपी ५७व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांखातीर अधिकृतपणान प्रवेशिका स्वीकारपाक सुरुवात केल्या. महोत्सव दिग्दर्शक आशुतोष गोवारीकर हांच्या फुडारपणा खाला आशियांतल्या सगळयांत पोरन्या चित्रपट महोत्सवांत "इंडियन पॅनोरमा'
हो एक मुखेल विभाग आसतलो; तातूंत 25 पुराय लांबायेचे (फीचर फिल्म्स) आनी 20 लघु/डॉक्यूमेंटरी (बिगर फीचर) चित्रपट दाखयतले. तशेंच पदार्पण करपी दिग्दर्शकां खातीर पुरस्कार आनी डिजिटल वेब मालिका आसपावीत करतले. भारतीय श्रेणींत नोंदी सादर करपाची निमाणी तारीख ऑगस्टाच्या मध्याक आसा , जाल्यार 'फिल्मफ्रीवे' वरवीं आंतरराष्ट्रीय श्रेणींत नोंदी सादर करपाची निमाणी तारीख 31 ऑगस्ट 2026.

गोंयचे पंढरपूर म्हुण फामाद आशिल्या  विठ्ठलापुर साखळीतल्या श्री विठ्ठल मंदिरात आषाढी एकादशीच्या निमतान विंगड विंगड धार्मिक आनी सांस्कृतिक कार्यावळीनी मनोवपात येता. आयज सकाळी सात वरांसावन आषाढी एकादशी निमतान श्री विठ्ठल मंदिरात राजकीय आनी  सामाजिक मळावयल्या मानेस्तानी  देवळात येवन अभिशेक करून श्री विठ्ठल देवाचे  आशीर्वाद घेतले. मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे, मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट,  भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामूं नायक तशेच हेर भाविकांनी श्री विठ्ठलाचेर अभिषेक करून आशीर्वाद  घेतले . आषाढ़ी एकादशीच्या निमतान आयज मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी लोकाक परबी दिल्यात .

इतले मजगतीं  आषाढी एकादशीच्या निमतान दिवचल म्हालांत सांखळी,दिवचल, मुळगाव, मये,आनी हेर सुवातानी  सांस्कृतिक कार्यवळींचें आयोजन केला.

आषाढी एकादशीची परब मडगावात व्हडा उमेदीन आणि भक्तीभावान मनयली. मडगांव शारांतल्या पाजीफोंडच्या श्री हरी दमंदिरात आनी कोंबांतल्या श्री विठ्ठल राखुमाई देवळांत हजारांनी भक्तांच्या हाजिरेंत आषाढ़ी महा एकादशी भक्तीभावन मनयली. कोंबच्या श्री विठ्ठल देवळांत सकाळीं अभिषेक जाले उपरांत शेंकड्यांनी भक्तांनी दीसभर अभिषेक केलो. दवारलींतल्या के बी हेडगेवार विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी, शिक्षकांनी आनी पालकांनी आयज सकाळीं कोंबांतल्या श्री विठ्ठल राखुमाई देवळा कडल्यान दिंडी सुरू करून हरी मंदिरात सोंपयली, त्या वेळार रिंगण आनी भजन कार्यावळ जाली.
मजगती  मडगांवच्या रवींद्र भवनांत वर्सुकी परंपरे प्रमाण आषाढी एकादस उमेदीन मनयली. मुंबयचो तरणाटो गायक उत्कर्ष वानखेडे आनी गोयाची युवा गायिका गार्गी सिद्धये हाणी अभंग आनी भक्तीगीतांचो  कार्यक्रम सादर केलो. तांकां  प्रज्ञा देसाय,  रुद्राक्ष वझे, हार्मोनियम  दत्तराज म्हाळशी, केदार धामस्कार आनी  गौतम  हाणी संगीत साथ दिली. ताचे आदीं डॉ के बी हेडगेवार, श्री महालसा नारायणी हायस्कुल , श्रीमती एस. ताराबाई हायस्कुल , आझामणे हायस्कुल ह्या शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी दिंडी आनी रिंगण सादर केलें.
ह्या कार्यावालीत कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर, भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत, नवेली आमदार उल्हास तुयेकर, भाजपा प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हाजीर आशिल्ले..

आयज फोंडा तालुक्याच्या वेगवेगळया विठ्ठलांच्या आनी हेर देवळांनी आषाढी एकादशी उत्सव व्हड उमेदिन मनयलो.वयलो बाजार फोंडाच्या  विठोबा देवळांत आषाढी एकादशी निमतान वेगवेगळे कार्यावळी आयोजीत केल्यो. बोरीच्या श्री नवदुर्गा देवळात एक दिसाचो

अखंड भजनी सप्तक घडोवन हाडलो. भक्तांनी सकाळीं सावन विठूरायचें दर्शन करून आनी नाम दिंडित आनी भजनी सप्तकांत वांटो घेवन आषाढी एकादशी  उत्सव मनयलो.

गोंयचो ग्रॅण्डमास्टर इथन वाझ हाणें आंतरराश्ट्रीय पांवड्यार आनीक एक उल्लेखनीय यश मेळयलां. युरोपांत जाल्ले प्रतिश्ठीत सर्बिया ओपन 2026 मास्टर्स सर्तींत ताणें तिसरी सुवात मेळयली .

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य महाराष्ट्र कोंकण, आनी गोंयात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. जाल्यार 26 ते 30 जुलय मजगतीं हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्यताल्या. गोंयांत 1 जून ते 24 जुलया मजगतीं सरासरी 44.25 इंच पावसाची नोंद जाल्या. अंदूं पावसाचें प्रमाण 35.2 टक्क्यांनी उणें आसा.